06.06.2025 6.30 PM

पीएम 80

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज जम्मू आणि काश्मीरच्या दौऱ्या वेळार चिनाब पुलाचे उक्तावण केले. ताणी अंजी खाड पुलाचेय उक्तावण केले. जगातलो सगळ्यात उंच रेल्वे आर्च ब्रिज, चिनाब पूल आणि भारतातलो पयलो केबल-स्टेड रेल्वे पूल आशिल्लो अंजी पूल,उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे लिंक (USBRL) चो भाग आसा. USBRL प्रकल्प हो पू राय पणान विद्युतीकृत विभाग आसा आणि तातुंत ३६ बोगदे आणि ९४३ पूल आसा. तशेच श्री माता वैष्णोदेवी कटरा स्टेशनाचेर श्री माता वैष्णोदेवी कटरा - श्रीनगर वंदे भारत एक्सप्रेसाक प्रधान मंत्रयानी पाचवा बावटो दाखयलो .

महेश 50

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय माहिती आनी प्रसिद्धी खात्या वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ णव जुनाक सकाळच्या साडे धा वरांचेर राजीव गांधी कला मंदिर फोडया आयोजित केल्या. मुखेल सोयरे मुखेल मंत्री दो प्रमोद सावंत आसतले तर मानाचे सोयरे म्हन केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक आसतले.

पीएम यूथ 140

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज भारतातल्या तरण्याटांच्या जागतिक कामगिरीचेर उजवाड घालो आणि म्हणले की, देशातल्या तरणाट्यांनी जागतिक स्तरार एक छाप सोडला. केंद्रातल्या एनडीए सरकारच्या सत्तेक ११ वर्षे पूराय जायत असताना,मोदी हांणी तरणांट्यांक गतिमानता, नवीनता आणि दृढनिश्चयाचे प्रतीक म्हणून वर्णन केले आणि म्हणले की, फाटल्या ११ वर्षांत देशाची वाढ युवा शक्तीच्या अतुलनीय उर्जेक लागुन आणि दृढनिश्चयान जाल्या सोशल मीडिया पोस्टात ताणी म्हळां की, फाटल्या ११ वर्षांत स्टार्टअप्स, विज्ञान, खेळ, सामुदायिक सेवा, संस्कृती आणि हेर वेगवेगळ्या क्षेत्रांत अकल्पनीय कामगिरी करपी तरणांट्यांची उल्लेखनीय उदाहरणा देशात पळोवंक मेळली फाटल्या ११ वर्षांत युवा सक्षमीकरणाच्या

उद्देशान धोरण आणि कार्यक्रमांमदी  निर्णायक बदल झाला.  स्टार्टअप इंडिया, स्किल इंडिया, डिजिटल इंडिया आणि राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० सारखे सरकारी उपक्रम या दृढ विश्वासात रुजल्यात. तरणांट्यांक सक्षम करप ही जे एक राष्ट्र करू शकत ती सगळ्यात शक्तिशाली गजाल अशे म्हणुन. प्रधान मंत्रयानी असाय विश्वासही व्यक्त केला की तरणाटे हे विकसित भारत निर्माण करपाच्या प्रयत्नांक बळकटी दित रावतले

महेश 45

हालीच INS तारिणी वेल्यान पुराय जग भोवंडी  करपी भारतीय नौदळाची दोन बायल लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आणि रूपा ए  ही पयली भारतीय बायलो थारली. तांच्या ईतिहासिक यशाची यशोगाथा सांगपी आकाशवाणीच्या खबरा विभागाची खासा कार्यावळ तुमका आयकुक मेळतली 105.4 मेगाहरडस एफ एम रेनबोचेर 7 जुनाक रातच्या णव  वरा 15 मिनटाचेर.

महेश 65

केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री पेम्मासनी चंद्रशेखर हाणी म्हनला की, ग्रामीण समुदायांक  सक्षम केल्याशिवाय विकसित भारत  शक्य ना. आज गोयात  मिरामार हांगा प्रधानमंत्री आवास योजना - ग्रामीण अंतर्गत प्रादेशिक ग्रामीण कार्यशाळेत उलयताना मंत्र्यान म्हणले की जेनना  आपले  गाव समृद्ध जातात तेना भारत समृद्ध जाता. प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदीच्या परिवर्तनकारी दृष्टिकोनातल्यान , प्रधानमंत्री आवास योजना अंत्योदयाच्या खऱ्या भावनेक मूर्त रूप दिता आनी निमण्या व्यक्तीक लेगित उभारी दिता अशे ताणी म्हणले -

हवामान 50

भारतीय हवामान खात्यान  आसाम आनी मेघालयांत काय सुवातीनी  पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडल्या 7 दिसांत ईशान्य भारत, केरळ, माहे, दर्यादेग कर्नाटक, हिमालयीन उपबंगाल आनी सिक्किमात हलको ते मध्यम पावस पडटलो असो अदमास

हवामान खात्यान  कडल्यान उक्तायला. आंध्र प्रदेश, रायलासीमा आनी भितरल्या कर्नाटकात गडगड, वीज अशी परिस्थिती उरतली अशे हवामान खात्यान सांगला.

स्पोर्ट्स 70

भारतीय क्रिकेट पंगड आज पाच खेळाच्या कसोटी मालिके खातीर इंग्लंडक गेल्यात ,जो २०२५-२७ आयसीसी वर्ल्ड टेस्ट चॅम्पियनशिपचो भाग आसा. ही मालिका जून ते ऑगस्ट २०२५ मजगती जातली. रोहित शर्मा आणि विराट कोहली या दोघांनीय या महिन्याच्या सुरुवातीक कसोटी क्रिकेटीतल्यान निवृत्ती जाहीर केल्या उपरांत ही भारताची पयली द्विपक्षीय कसोटी मालिका आसतली.